।। अथ श्रीसाईसच्चरीत ।। अध्याय २१ ।।

।। श्रीगणेशाय नमः ।। श्रीसरस्वत्यै नमः ।। श्रीगुरूभ्यो नमः ।। श्रीकुलदेवतायै नमः ।। श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ।। श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ।। फाटल्या अध्यायांत अखेरेक कथा आख्यान । ठाकुरा सारक्यांक म्हापुरसाचें दर्शन । कशें जालें तें घेयात आयकून । मन करून एकाग्र ।।१।। कोणाय वक्त्याचीं उतरां आयकतना । श्रोतो जर हालना धोलना । कसलोच ताचेर फरक पडना । गेलीं उतरां तीं फुकट ।।२।। ज्या उतरांनी श्रोते धादोसलेनात । गदगदून तांचे गळे दाटलेनात । दोळ्यांतल्यान प्रेमाश्रु देंवलेनात । गेलें फुकट तें कथन ।।३।। वाणी बाबांची मनोहारिणी । उपदेशाची अलोकीक [1]सरणी । दर पावलार जांची अभिनव करणी । मस्तक तांच्या चरणांचेर ।।४।। नशीब उजवाडना जे मेरेन । भेट घडना साधुसंतां कडेन । तो आसून पसून उशा कडेन । दिसना पापराशींक ।।५।। गजाल ही करचे खातीर साबीत । वच्चें पडना देश विदेशांत । हांवूच अणभवांतल्यान सिद्ध । सांगतां ती श्रोत्यांक ।।६।। पीर मौलाना नांवान प्रसिद्द । आसले वांद्रें शारांत सिद्ध । हिंदू पारशी परधर्मी [2]प्रबुद्ध । घेताले ते शुद्ध दर्शन ।।७।। हांव त्या शाराचो न्यायाधीश । [3]मुजावर तांचें नांव इनूस । फाटपुरवण केली रातदीस । येवपाक ताणें दर्शनाक ।।८।। हजारांनी लोक येतात जंय । आपणें कित्याक वच्चें थंय । तातूंतल्यान आपले प्रतिश्ठेक भंय । उपरासुये अशें दिसलें तांकां ।।९।। अशें कितें तरी भरलें मनांत । केन्नाच वच्चें न्हय दर्शनाक । भियेवचें आपणें आपलेच सावळेक । येवचें आड दुर्दैव तशें ।।१०।। अशीं वर्सांचीं वर्सां गेलीं । थंयच्यान मागीर बदली जाली । मुखार जेन्ना ती संद आयली । जोडली शिरडी

१. मार्ग, पद्‌दत. २. विद्वान. ३. मशिदीची नितळसाण दवरपी सेवेकरी.

अखंड ॥११॥ तात्पर्य संताचो हो सांगात । अभाग्याक तो कसो मेळत । ईश्वरी कृपेन तो जाता सहज । नाजाल्यार योग हो कठीण ॥१२॥ अशी ही गोड कथा । श्रोत्यांनो आदरान आयकात आतां । ह्यो संतांच्यो [1]अनादि संस्था । गुप्त वेवस्था कश्यो त्यो ॥१३॥ वर्तमान काळांत योग्य वेळार । आपले आवडीचे सुवातेर । अवतार घेतात कार्या खातीर । तरीय ते एकूच एकामेकांक ॥१४॥ देश काळ वस्तू भिन्न । तरीय एकाची जी वळख पूर्ण । दुसरो संत जाणटा संपूर्ण । अंतरांत एकपण सर्वदा ॥१५॥ जे तरेन चक्रवर्ती राजाचीं ठाणीं । वसयिल्लीं असतात जाग्याजाग्यांनी । थंय थंयची मागीर आमदनी । मेळयतात ते अधिकारी नेमून ॥१६॥ तसोच हो स्वानंदसम्राट । जाग्याजाग्यांचेर जावन प्रकट । चलयता हो निजराज्य [2]शकट । हालयता सुत्रां गुप्तपणान ॥१७॥ एकदां एक उच्चविद्या [3]विभूषीत । बि ए चे उपाधी युक्त । जे एक एक बडटी मेळयत । जाल्ले अधिकारी नामनेचे ॥१८॥ मेळळी मुखार मामलतदारी । वाडटां वाडटां जाले जिल्ल्याधिकारी । तांकां साईबाबांची संगत बरी । व्हड नशिबानूच मेळिल्ली ॥१९॥ दिसपाक जरी ही मामलतदारी । 'पयसुल्ल्यान जशी दोंगुल्ली बरी' । लागीं पावतकूच भरल्या [4]काजरीं । तरीय मानान ती व्हडूच ॥२०॥ गेले ते आदले गोड दीस । जेन्ना आसली ह्या अधिकाराची हौस । लोकूय अधिकाऱ्यांक मान दीत । खोस दोगांकूय तितलीच ॥२१॥ विचारूं नाकात आतांचे हाल । सुखाची नोकरी, गेलो तो काळ । आतां जबाबदारीचो सुकाळ । वलो दुकळ पयशांचो ॥२२॥ आदलो मामलतदारीचो मान । तशेंच आदल्या प्रांताभशेन । वैभव आतां तें येना दिसून । केली प्रामाणीक नोकरी तरीय ॥२३॥ आसूं, तेंय अधिकारसंपादन । उपाट पयसो वेंचले वीण । करिनासतना सतत अभ्यासशीण । हेर कोणाक जमत करपाक ॥२४॥ आदीं बीए जावचें पडटा । मागीर तो [5]नगदी कारकून जाता । पगार तीस रुपया मेळटा । मार्गांत येता गती अशी ॥२५॥ योग्य वेळार घांटार वच्चें । जमीनमापणे

१. जांच्या आरंभा विशीं कांयच खबर ना अश्यो. २. राज्याचो गाडो. ३. मेळयिल्ले. ४. काजऱ्याच्या झाडांनी. ५. रोख वेव्हाराचो हिशोब दवरपी.

काम शिकचें । मेजणेदारां मदीं रावचें । जावचें पास परिक्षेंत ।।२६।। मुखार जेन्ना कोणूय असामी । स्वता वतली वैकुंठधामीं । करतली आपली सुवात रिकामी । येतली ती हाच्या उपेगाक ।।२७।। आतां आसूं हें चरवण । कित्याक जाय फुकटची कणकण । अशाच एकल्याक साईंची भेट घडून । जाली ती गजाल आयकात ।।२८।। बेळगांवां लागीं वडगांव म्हणून । आसा एक गांव ल्हान । आयलो पंगड मेजपाक जमीन । उरलो राबित्याक रातचो ।।२९।। गांवांत आसले सत्पुरूष एक । गेले तांच्या दर्शनाक । चरणांचेर दवरून मस्तक । मेळयलो प्रसाद आशिर्वाद ।।३०।। त्या सत्पुरसाच्या हातांत । आसलो निश्चलदास लिखीत । 'विचारसागर' नांवाचो एक ग्रंथ । वाचीत आसले तेन्ना ते ।।३१।। उपरांत कांय वेळान । येतां म्हणून सांगून । ग्रहस्थ लागले वचपाक उठून । आयकात साधवान कितें सांगलें ।।३२।। बरें आतां तुमी येवचें । ग्रंथाचें ह्या निरिक्षण करचें । तातूंतल्यान मनोरथ तुमचे । जातलें पूर्ण मतींत दवरात ।।३३।। मुखार तुमी तुमच्या कामाक । वतले जेन्ना उत्तर दिशेक । मेळटलो थंय सत्पुरूष एक । महाभाग्यानूच पळयात तुमकां ।।३४।। फुडलो मार्ग ते दाखयतले । मनाची थिराय तेच दितले । तेच मागीर उपदेश करतले । दितले पटोवन बोध आपलो ।।३५।। थंयचें मागीर तें कार्य सोंपलें । उपरांत जुन्नराक बदलेर गेले । [१]नाणेंघांटार चडचें पडलें । तेन्ना आयलें व्हड संकश्ट ।।३६।। मार्ग थंयचो भोव कठीण । रेड्या वयल्यान चडटाले चडण । रेडो हेंच थंयचें वाहन । हाडलो लागीं बसपाक ।।३७।। जातले मुखार व्हड अधिकारी । मेळटल्यो घोडे गाडयो मोटारी । आयज मात ही रेड्याची सवारी । परिस्थिती घेयात समजून ।।३८।। घांट पांयांनी चडप कुस्तार । नासलें शक्य रेड्या बगर । अशी ती नाणेघांटाची आगळी खबर । वेगळेंपण वाहनाचें ।।३९।। मागीर तांणी केलो विचार । रेडो एक केलो तयार । चडयलें ताचेर खोगीर । बसले चडून व्हड यत्नांनी ।।४०।। बशिल्ले खरे पूण आसली चडण । रेड्या असलें

१. ह्या नांवाचो एक घांट आसा.

आगळें वाहन । झेलपटे धक्के खावन खावन । लागलें दुखपाक फाटींत ॥४१॥ फुडें असो हो प्रवास सोंपलो । जुन्नराचो राबितो आटापलो । मागीर बदलेचो हुकूम आयलो । हाल्लो मुक्काम थंयच्यान ॥४२॥ कल्याणाक जाली बदली । चांदोरकरांची भेट घडली । साईनाथांची कीर्त आयकली । लागली तळमळ दर्शनाची ॥४३॥ दुसऱ्याच दिसा योग खरोखर । जाताले चांदोरकर तयार । म्हणपाक लागले चलात बरोबर । करुया वारी शिरडीची ॥४४॥ घेवया बाबांचें दर्शन । करुया दोगूय तांकां नमन । एक दोन दीस थंय रावून । परतुया मागीर कल्याणाक ॥४५॥ पूण त्याच दिसा ठाणें शारांत । सुनावणी दिवाणी न्यायालयांत । थारिल्ली तिची तारीख ज्युस्त । म्हणून सोडलो सांगात ॥४६॥ नानासाहेब आगरो करीत । चलात हो आसात बाबा समर्थ । पूर्ण करतले दर्शनाचो हेत । जाय कित्याक तो मुकदमा ॥४७॥ पूण हें कशें तांकां पटत । तारीख चुकोवपाक दिसताली भिरांत । धांवधपट्यो ह्यो कश्यो चुकत । बरयल्यात ज्यो नशिबांत ॥४८॥ नानासाहेब चांदोरकरान । आदले कांय अणभव सांगून । म्हणलें दर्शनाची इत्सा मनांतल्यान । धरल्यार विघ्नां पळटात कुशीक ॥४९॥ पूण बसनासलो विस्वास मनाक । करतले कितें आपल्या सभावाक । म्हणलें आदीं हुसको घालोवपाक । लावया निकाल दाव्याचो ॥५०॥ आसूं, मागीर ते गेले ठाण्याक । चांदोरकर गेले शिरडीक । दर्शन घेवन लागले परतुपाक । अजाप हेवटेन घडलें पळयात ॥५१॥ वेळार जरी ते राविल्ले हाजीर । दाव्याचें काम व्हेल्लें मुखार । चांदेरकरूय पाविल्ले मुखार । फजेत जाली बरीच ॥५२॥ विस्वास दवरल्यार बरें जावपाचें । चांदोरकर वांगडा व्हरपाचे । दर्शनूय सुसेगीदीन मेळपाचें । शिरडींत श्रीसाईंचें ॥५३॥ दाव्या असलो दावोय उरलो । साधवाचो सांगातूय चुकलो । थंयच मागीर निश्चेव केलो । वचपाचो स्वताच शिरडीक ॥५४॥ घडये पावतकूच शिरडींत । वेळार नानांची भेटूय घडत । स्वताच बाबां कडेनूय व्हरत । खोस जातली मनाक ॥५५॥ शिरडींत ना वळखीचो कोण । हांवूय थंय नवखो पूर्ण । नानांची वळख

सगल्यां कडेन । मेळ्ळ्यार पुरो नशिबान ॥५६॥ अशे विचार करीत मनांत । बसले ते वचून रेल्वेंत । दुसऱ्या दिसा पावले शिरडींत । अर्थांतूच नाना नासले थंयसर ॥५७॥ हे ज्या दिसा वचपाक गेले । नाना त्याच दिसा थंयच्यान परतले । तातूंतल्यान हे भोव निरशेले । दुख्खी जाले मनांत ॥५८॥ आसूं, मागीर तांकां नशिबान । आदले तांचे एक इश्ट मेळून । घडयलें तांणी साईंचें दर्शन । जाली इत्सापुर्ती मनाची ॥५९॥ दर्शनाक लागून जडलें चित्त । घालो साश्टांग दंडवत । आंगार कांटो फुल्लो झरझरीत । देंवले प्रेमाश्रू दोळ्यांतल्यान ॥६०॥ खीणभरांत ते जातकूच सावचीत । बाबा तांकां कितें म्हणीत । [१]त्रिकालज्ञ तोंड करून सस्मीत । आयकात लक्ष दिवन ॥६१॥ ''कानडी आप्पाचें तें सांगप । जशें रेड्याचेर बसून घांट चडप । इतलें ना सोंपें हांगाचें चलप । आंग झरोवप चुकना'' ॥६२॥ कानांत पडटकूच हो अक्षरमंत्र खुणेचो । गळो चडूच भरून आयलो तांचो । उगडास जालो त्या सत्पुरसाच्या उतरांचो । वचन अणभवाक आयलें तांचें ॥६३॥ मागीर जोडून दोनूय हात । घालो साईचरणांचेर दंडवत । म्हणलें हे साईनाथा कृपा करात । घेयात पदरांत अनाथाक ह्या ॥६४॥ तुमीच म्हजे म्हापुरूस । निश्चलदास ग्रंथ उपदेश । आयज म्हाका कळ्ळो [२]अशेष । निर्विशेश सूखबोध ॥६५॥ खंय वडगांव खंय शिरडी । कितें ही सत्पुरूस-म्हापुरूस जोडी । कितली ती स्वल्पाक्षर भास उकती । कितली उपदेश कुशळटाय ॥६६॥ एकलो म्हणटा वाचात ग्रंथ । घडटलो फुडें सत्पुरसाचो सांगात । मागीर ते फुडल्या कर्तव्याचो उपदेश । करीत योग्य तरेन ॥६७॥ दैवयोगान तेंय मेळ्ळें । तेंच तें हें खुणेनूय पटयलें । मात तें एकल्याचें वाचिल्लें । हाडपाक जाय आचरणांत दुसऱ्यान ॥६८॥ सांगपाक लागले तांकां साईनाथ । ''अप्पांनी सांगिल्लें तें यथार्थ । पूण जेन्ना तें येतलें कृतींत । पूर्ण मनोरथ जातलें तेन्नाच'' ॥६९॥ निश्चलदासांचो 'विचारसागर' । वडगांवांत भक्ता खातीर जालो उच्चार । कांय तेंपान ग्रंथपारायणा उपरांत ।

१. भूत, वर्तमान, भविश्य काळांनी घडपी गजालींचें ज्ञान आशिल्लो. २. संपूर्ण.

सांगलो आचार शिरडींत ॥७०॥ ग्रंथ करचो आदीं श्रवण । ताचेंच मागीर करचें मनन । जातकूच पारायण आवर्तन । पावता तो एकाग्रतायेक ॥७१॥ फकत वाचपा पुरतें न्हय वाच्चें । उपरांत तें कृतिंतूय येवचें । नातर उमथ्या कळशाचेर उदक रकचें । तशेंच सगलें जावपाचें ॥७२॥ व्यर्थ व्यर्थ ग्रंथवाचन । तातूंत जर मेळना अणभवज्ञान । ब्रह्मसंपन्न गुरूकृपेवीण । निश्फळ ज्ञान पुस्तकांतलें ॥७३॥ कथा ल्हानशी ह्याच अर्थाची । दाखयतली योग्यताय भक्तीची । अत्यावश्यकताय पुरुषार्थाची । आयकात स्वहिता खातीर श्रोत्यांनो ॥७४॥ एकदां एक पुण्यपट्टणकर । नांवान अनंत पाटणकर । साईदर्शनाची इत्सा अनावर । आयले बेगोबेग शिरडींत ॥७५॥ वेदान्त आयकल्लो पुरायेन । [१]सटीक उपनिशदां वाचिल्लीं संपूर्ण । तरीय कायम चंचल मनांतल्यान । थांबनासली तळमळ मनाची ॥७६॥ घेतकूच साईंचें दर्शन । दुकां गळ्ळीं दोळ्यांतल्यान । करून चरणांक अभिवंदन । केलें पुजन [२]यथोक्त ॥७७॥ मागीर हात जोडून । बसले मुखार बाबांक तेंकून । अनंतरावांनी भोव नमळायेन । विचारलें बाबांक तें आयकात ॥७८॥ केलें अनेक ग्रंथांचें वाचन । वेदवेदांग–उपनिशदांचें अध्ययन । केलें शास्त्रोक्त –पुराणश्रवण । तरीय मन हें निराश कित्याक ॥७९॥ वाचलें तें फुकट गेलें । अशेंच आतां दिसपाक लागलें । अशिक्षीत भावार्थी पसून बरे । दिसतात म्हजे परस ॥८०॥ फुकट गेलें ग्रंथ अवलोकन । फुकट शास्त्रपरिशीलन । व्यर्थ हें सगलें पुस्तकी ज्ञान । अशांत मन हें जे मेरेन ॥८१॥ कित्याक ती विद्वत्ता पोकळ । कित्याक महत् वाक्यांचो जप । जातूंतल्यान मेळना शांती चित्ताक । ब्रह्मज्ञान कसल्या उपेगाचें ॥८२॥ पातळ्ळी खबर काना कानांतल्यान । चिंता निवारण जाता साईदर्शनान । गजाली आनी फकांडांतल्यान । सन्मार्ग सहज ते दाखयतात ॥८३॥ म्हणुनूच म्हाराजा आशेन । पावलों तुमच्या चरणां कडेन । दियात अशें आशिर्वचन । मेळची थिराय म्हज्या मनाक ॥८४॥ तेन्ना म्हाराजांनी सांगली तांकां । एक

१. व्याख्ये सयत. २. सांगिल्ले प्रमाण.

विनोदपर आख्यायिका । तातूंतल्यान अनंतरावांच्या मनां । मेळळें सफळ समाधान ॥८५॥ ती ल्हानशीच पूण परम सार । सांगतां कथा आयकात तत्पर । विनोद तरीय तो बोधपर । कोण अनादर करतलो ॥८६॥ बाबांनी दिलें प्रत्युत्तर । ''एकदां आयलो एक [१]सौदागर । तेन्ना एका घोड्यान मुखार । लेंडयो णव उडयल्यो ॥८७॥ वेपारी तो कार्यांत तत्पर । लेंडयो पडटना पसरलो पदर । बांदून घेतल्यो त्यो घट्ट समग्र । पावलो चित्त एकाग्रतायेक'' ॥८८॥ साईसमर्थ हें उलयले कितें । आसुये ताचो मतितार्थ कितें । वेपारी लेंडयो जमयता कितें । लागना अर्थ कितेंच ॥८९॥ असो विचार करीत करीत । अनंतराव आयले परत । सांगलें संभाशण [२]इत्थंभूत । [३]केळकरांक तांणी ॥९०॥ म्हणलें वेपारी तो कोण । लेंडयांचें कितें [४]प्रयोजन । णवांचेंच कितें कारण । सांगात सोंपें करून म्हाका ॥९१॥ दादा हें कसलें कुवाडें । अल्पबुद्धी म्हाका सुटना तें । जातलें बाबांचें हृदय उकतें । समजायात अशे तरेन ॥९२॥ 'म्हाकाय कळना' दादांनी सांगलें । बाबांचें हें उलोवप असलें । तरीय तांचेच स्फुर्तीन जितलें । सांगतां कळटा तितलें ॥९३॥ कृपा ईश्वरी तें हें घोडें । हें नवविधा भक्तीचें कुवाडें । भक्ती बगर ना परमेश्वर [५]जोडे । एकल्याचे बुद्दीक न्हय हें कळपाचें ॥९४॥ श्रवण किर्तन विष्णुस्मरण । चरणसेवन अर्चन वंदन । दास्य सख्य आत्मनिवेदन । भक्ती ही वळख नवविधा ॥९५॥ पूर्ण भाव दवरून मनांत । हांचे मदली एक जरी घडत । श्रीहरी भावाचो भुकेलो आसत । प्रगट्टलो घरांतूच भक्तांच्या ॥९६॥ जप तप व्रत योगसाधन । वेद उपनिशद [६]परिशीलन । उदंड अध्यात्मज्ञान निरुपण । भक्ती नासल्यार तें पोकळ ॥९७॥ नाका वेदशास्त्र प्राविण्य । नाका ज्ञानी हे दिगंतकीर्त । नाका सुकी भजन प्रीत । प्रेमळ भक्तीच गरजेची ॥९८॥ वेपारी समजात तुमी स्वताक । वळखात सौद्याच्या ह्या भावार्थाक । श्रवणा सारके भक्तीचो बावटो उबतकूच । ज्ञानराजाक जाता खोस ॥९९॥ उडयल्यो लेंडयो णव घोड्यान । वेपारी

१. वेपारी. २. पुराय. ३. गणेश दामोदर केळकर म्हणल्यारूच दादा केळकर. ४. हेत. ५. मेळना. ६. अभ्यास.

धांवलो घेवंक तळमळीन । तश्योच नवविधा भक्ती श्रद्धेन । धरतकूच विसावता मनांत ॥१००॥ तातूंतल्यानूच मनाक मेळटली स्थिरताय । सगल्याक सद्‌भाव गंभीरताय । ताचे बगर अनिवार्य ही चंचलताय । सांगताले गुरूवर्य प्रेमपूर्वक ॥१०१॥ दुसऱ्या दिसा अनंतराय । वंदुपाक वतकूच साईंचे पांय । ''पदराक बांदल्यो लेंडयो व्हय'' । विचारलें तांकां बाबांनी ॥१०२॥ अनंतरावानी सांगलें ताचेर । कृपा आसची ह्या गरिबाचेर । बांदप जातल्यो त्यो त्याच बळग्याचेर । कितलें तांचे हें म्हानपण ॥१०३॥ आशिर्वाद दिलो तेन्ना बाबान । ''कल्याण जातलें'' दिलें आस्वासन । अनंतराव सुखावले मनांतल्यान । जाले धादोशी संपूर्ण ॥१०४॥ आतां आनीक ल्हानशीच कथा । श्रोत्यांनो आयकात सादरचित्ता । कळटली बाबांची अंतर्ज्ञानिता । सन्मार्ग प्रवर्तकता तशीच ॥१०५॥ एकदां एक वकील आयले । येना फुडेंच मशिदींत गेले । साईनाथांचें दर्शन घेतलें । केलें वंदन चरणांक तांच्या ॥१०६॥ रोखडीच मागीर दिवन दक्षणा । बसले कुशीक वकील त्या खिणा । थंय चलिल्ल्या साई–संभाशणा । उदेली इत्सा मनांत ॥१०७॥ बाबांनी तेन्ना पळयलो वकिलाक । लागले ताका पळोवन उलोवपाक । बोल तांचे ते लागले वर्माक । जालो पश्चाताप वकिलाक ॥१०८॥ ''लोक तरी हे लबाड कितले । पांयां पडटले दक्षणाय दितले । भितरल्यान मागीर गाळीय संवतले । कितें म्हणचें ह्या सभावाक'' ॥१०९॥ आयकून तें वकील गप्प रावले । तरीय ते मनांतल्यान ज्युस्त वळखले । उतरांचे बाण वर्माक लागले । होलमलें तांकां तात्पर्य ॥११०॥ फुडें जेन्ना ते वाड्यांत गेले । दीक्षितांक तांणी सगलें सांगलें । बाबा थंय जें जें उलयले । तांच्याच त्या उतरांनी ॥१११॥ येनाच फुडें थोमणो मारलो । म्हाका तो फकत इशारो दिसलो । कोणाच्या निंदा फकांडांक थारो नासलो । केन्नाच तांच्या अंतरांत ॥११२॥ शरीर प्रकृती जावन अस्वस्थ । [१]मुन्सफ आमचे जाले त्रस्त । रावले रजेर हांगा सुसेगाद । सुदारची

१. सकयल्या दिवाणी कोर्टांतलो न्यायाधीश.

म्हूण भलायकी आपली ॥११३॥ वकिलांचे कुडींत आसतना । मुन्सफा विशींच्यो जाल्यो वार्ता । प्रत्यक्षांत थेट संबंद नासतां । चल्ली चर्चा बरीच ॥११४॥ वखदां विणें हे कुडीचे रोग । चुकतले कशे लागून साईंच्या नादाक । पावले जे न्यायाधीश पदाक । तांकां हे धंदे सोबतात व्हय ॥११५॥ अशी तांची निंदा चलतां । चलिल्लीं साईंचींय फकांडां । हांवूय तांचे मदीं आसलों अंशता । ताची अयोग्यताय दाखयली ॥११६॥ थोमणो न्हय हो अनुग्रह । व्यर्थ कोणाचो [१]ऊहापोह । भगल्यो [२]निंदा असो कुश्चित्री संग्रह । धरचो न्हय सांगात असत्याचो ॥११७॥ आनीक एक हें प्रत्यंतर । आसतना शंबर कोसांचें अंतर । साईंक सगल्यांच्या मनांतली खबर । खरे अंतर्ज्ञानी म्हाराज ॥११८॥ आनीक एक जालो निवाडो खर । आयले जरी मदीं अडचणींचे दोंगर । कितेंच चुकयना साईंची नदर । गुपितूय उकतें सगलें तांकां ॥११९॥ आसूं, फुडें तेन्नाच्यान । केलो निश्चेव वकिलान । अतप्पर करचों ना निंदा फकाण । घालो पीळ कानाक ॥१२०॥ तुमी खंयूय कितेंय केल्यार । अशक्य साईंची चुकोवप नदर । हाचे विशीं खात्री जातकर । वायट बुद्दी विरगळ्ळी ॥१२१॥ सत्कार्याची आयली इत्सा मनांत । फाटीं फुडें साईंचो सांगात । समर्थ कसो तांकां फसयत । निर्धार मनांत हो जालो ठाम ॥१२२॥ पळोवंक गेल्यार हे कथे कडेन । संबंद तिचो त्या वकिला कडेन । तरी सगल्यांक आनी सगले वटेन । बोधदिणी सगल्यांक सारकीच ॥१२३॥ वकील वक्ते श्रोते [३]समग्र । आनीक साईंचे भक्त हेर । तांचोय असोच निर्धार । जावचो खरेपणीं मागतां हांव ॥१२४॥ जातकूच शिंवर साईकृपेचो ।

---

१. चर्चा. २. अंजनवेलचे मथुरादास म्हाराजांच्या दर्शनाक बरेच फावट येताले. थंय शिरडींत एक सगूण नांवाचो खानावळ चलोवपी आसलो. तागेर ते रावताले. एकदां ते आनी सगूण उलयत बशिल्ले आसतना कांय लोकांचीं फकांडां, बकत्शायो चलिल्ल्यो. उपरांत मथुरादास म्हाराजां कडेन गेले. ते बसतकूच रोखडेंच म्हाराजांनी विचारलें, ''सगूण कितें म्हणटालो?'' अर्थांतूच मथुरादास कांचवेले आनी सगुणा कडेन जें चलिल्लें तें म्हाराजांक पसंत ना म्हणपाचें मनांत वळखले. कोणाच्योच टवाळ्यो, भगल्यो मारप वा त्यो आयकप योग्य न्हय, ही शिकवण तांणी घेतली. ३. सगले.

धादोसतलो जीव सगल्यांचो । दुबाव हाचे विशीं न्हय धरचो । भागतली तान सगल्यांची ।।१२५।। अगाध साईनाथांचें महिमान । अगाध तांच्यो कथा परम । अगाध साईचरित्राची शीम । खरोखुरो अवतार परब्रह्म ।।१२६।। आतां फुडल्या अध्यायांत कथा । आयकुची भक्तीन श्रद्धाळू श्रोतां । पूर्ण करतलो तुमच्यो इत्सा । मेळटली थाकाय मनाक ।।१२७।। भक्तांची भावी संकश्ट अवस्था । आदींच कळटा साईसमर्था । फकांड मस्करी करतां करतां । हांसतां खेळटां घालयतात ।।१२८।। भक्त हेमाड साईंक शरण । जालें हें कथानक पूर्ण । फुडले कथेचें आख्यान । संकश्ट निवारण भक्तांचें ।।१२९।। कशे हे साई दयाघन । भक्तांचीं फुडलीं संकश्टां कठीण । पयलींच वळखून करतात निवारण । दिवन जाणीव वेळारूच ।।१३०।। संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । अनुग्रहकरणं नांवाचो हो एकविसावो अध्याय सोंपता हांगाच ।।

।। श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ।। शुभं भवतु ।।

❍ ❍ ❍